# गावच्या विकासाखातीर लोकांची एकजूट म्हत्वाची-राज्यपाल

ता. 10 जानेवारी 2019
20 पौष 1940

जशी विविधतायेत एकजूट ही आमच्या देशाची खरी ताकद आसा, तशीच ग्रामस्थांची एकजूट ही खंयच्याय गावचीय ताकद आसता, जी गावच्या सर्वांगिण विकासाखातीर म्हत्वाची आसा अशें गोंयच्यो राज्यपाल डॉ.(श्रीमती)मृदुला सिन्हा हांणी पारोडा हांगा पंचायत संचालनालयान दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालय, पारोडा ग्रामपंचायत आनी गोंय विद्यापीठाच्या सहकार्यान उन्नत भारत अभियानाखाला आयोजित कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

गोंयाक आपलो समृध्द इतिहास आनी संस्कृतीखातीर खाशेली स्वतःची वळख आसा, जी आमच्या भावी पिळगेखातीर राखून दवरपाची गरज आसा. खायात, पियात आनी मजा करात ही आमची संस्कृती न्हय. आयज जगामुखार गोंयची चुकीची वळख निर्माण जाल्या, हे बरोबर न्हय. आमी संवसाराक गोंयची खरी वळख करून दिवपाक यत्न करपाक जाय, अशेंय राज्यपालान म्हणले.

फुडें उलयताना राज्यपालान म्हणले, गोंय विद्यापीठ ही एक उत्कृश्ट संस्था आसून हया संस्थेत विद्यार्थ्यांक ज्ञान दिवपावांगडाच तांका सामाजिक जापसालदारकेची जाणीव करून दिवपात येता. सरकाराच्यो लोकांखातीर साबार येवजणो आसात, पूण जेन्ना सरकारी अधिकारी लोकांच्या दारामेरेन वचून हया येवजणांची लोकांक माहिति करून दितले, तेन्नाच त्या येवजणांचो फायदो लोकांक मेळटलो. ते खातीर अधिका-यांनी गावांनी वचून लोकांकडेन संवाद सादचो आनी लोकांच्यो अडीअडचणी समजून घेवच्यो आनी त्यो सोडोवपाक उपाय करचें, अशें डॉ. सिन्हा हांणी सांगले.

गोंय विद्यापीठाचे उपकुलगुरू प्रो. वरूण साहनी हांणी म्हणले, उन्नत भारत अभियान कार्यक्रमातल्यान दत्तक घेतिल्ल्या गावांचे प्रस्न समजून घेवपाक मदत जातली. गावच्यो समस्या जाणून घेवन त्यो सोडोवपाखातीर संबंदीत यंत्रणाकडल्यान प्रयत्न करपात येतले. गोंय राज्यात गोंय विद्यापीठाक संलग्न आशिल्ली अकरा महाविद्यालया आसात आनी प्रत्येक महाविद्यालय पाच गांव दत्तक घेतले. म्हणजे गोंय विद्यापीठ आनी महाविद्यालयांकडल्यान साठ

गांव दत्तक घेवप जातले.  उन्नत भारत अभियान कार्यक्रमातल्यान ग्रामीण विकासाच्या प्रक्रियेत म्हत्वाचो बदल घडोवन हाडपाक मदत हातली, अशेंय तांणी सांगलें.

कुंकळ्ळीचे आमदार श्री. क्लाफासियो डायस हांणी कुंकळ्ळी मतदार संघातले पारोडा गाव दत्तक घेतिल्ले खातीर गोंय विद्यापीठाचे उपकार मानले आनी हया कार्यक्रमाच्या माध्यमातल्यान पारोडा गावच्या विकासाचेर खास भर दिवपात येतलो, अशें सांगले.

राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेश कुमार ठाकूर, पंचायत संचालक श्री. राजन सातार्डेकर, अतिरिक्त संचालक श्रीमती फ्लोरिना कुलासो, राज्यपालाचे विशेश अधिकारी श्री. अंषूमन अभिषेक, पारोडा ग्रामपंचायतीचे सरपंच श्री. इनासियो तेरेझा, गोंय विद्यापीठाचे निबंधक श्री. वाय.व्ही.रेड्डी, जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती मिनाक्षी गावकर आनी हेर नागरीक हया वेळार हजर आशिल्ले.

सुरवेक श्री. इनासियो तेरेझा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.  डॉ. उदय गावकार हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले जाल्यार निमणे श्रीमती फ्लोरिना कुलासो हांणी उपकार मानले.

मा/वाप/टीएसरसां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/30